राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयज सकाळीं पयलेच फावट पोर्तुगाल आनी स्लोव्हाकियाच्या भोंवडेच्या पयल्या पांवड्यार लिस्बनाक पावल्या. त्यो आयज पोर्तुगेजाचे समकक्ष मार्सेलो रेबेलो द सौसा हांचेकडेन उलोवणी करतल्यो. प्रधानमंत्री लुईस मांटनीग्रो आनी संसदेचे अध्यक्ष जोसेफ ब्रॅन्को हांचीय त्यो भेट घेतल्यो. तशेंच लिस्बनाची मेयर राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांच्या सन्मानार्थ एक खाशेली कार्यावळ घडोवन हाडटल्यो. द्रौपदी मुर्मू ह्यावेळार पुर्तुगालांतल्या भारतीय वांगड्यांक भेट दिवन विद्यापिठांतल्या आनी शिक्षणीक संस्थांच्या कांय भारतीय संशोधकांकडेन भासाभास करपाची शक्यताय आसा. भारत आनी पोर्तुगाल हांचेमदले घटमुट करपाविशी भासाभास जातली. हो प्रसंग मनोवपा खातीर राष्ट्रपती भारत आनी पोर्तुगाल हांकां एकठांय हाडपी कला आनी सांस्कृतीक दायज दाखोवपी यादेस्तीक शिक्को उजवाडाक हाडटल्यो. 9 ते 10 एप्रील मेरेन मुर्मू स्लोव्हाकियाचो अध्यक्ष पीटर पेलेग्रीनी हांच्या आमंत्रणा प्रमाण स्लोव्हाकियाक भेट दितल्यो. भारताच्यो राश्ट्रपती 29 वर्सां उपरांत स्लोव्हाकियाचे भेटेर आसात.

केंद्रीय अर्थ आणि कॉर्पोरेट व्यवहार मंत्री निर्मला सीतारमण फाल्यांसावन ह्या म्हयन्याच्या १३ तारखेमेरेन युनायटेड किंग्डम आणि ऑस्ट्रियाच्या भेटेर वतल्यो. त्यांच्या ह्या भेटेवेळार अर्थमंत्री दोनूय देशांमदल्या मंत्रीस्तरीय द्विपक्षीय बसकांक हाजीर रावतले. अर्थ मंत्रालयाच्या म्हणण्याप्रमाण, त्यो १३ व्या मंत्रीस्तरीय बसकेक हाजीर रावतल्यो. सीतारमन दोनूय देशांच्या गुंतवणूकदार आणि व्यावसायिक फुडाऱ्यांसयत भासाभासूय करतल्यो.

भोमा सावन पोरणें गोंय मेरेनच्या 7 किलो मिटर लांबयेच्या रस्त्या खातीर केंद्रान 1060.21 कोटी रुपयां मंजूर केल्यात. केंद्रीय रस्तो येरादारी आनी म्हामार्ग मंत्री नितीन गडकरी हांणी ही म्हायती दिली. ह्या रस्त्या खातीर केंद्रान 1060.21 कोटी रुपयां मंजूर केल्ल्यान मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी केंद्राचे उपकार मानल्यात. हो रस्तो अरुंद आशिल्ल्यान भोमा, कुंडय, खोर्ली हांगा सेगीत येरादारीची कोंयडी जाता. ह्या 7 किलोमिटराच्या पट्ट्याचेर

वट्ट 4.275 मीटराचे इलीवेटेड कॉरीडॉर बांदतले. हो पट्टो पुराय जातकच पणजे सावन खंडेपार मेरेनचो फोर लेन रस्तो पुराय जातलो.पणजी-बेळगांव रस्तो फोर लेन जाले उपरांत तेलंगण, आंध्र प्रदेश आनी कर्नाटक सावन गोंयांत येवपी प्रवासी आनी म्हाल येरादारी चड सुरळीत जातली.

पेट्रोल आनी डिझेलाचेर दर लिटराक दोन रुपया अबकारी कर वाडोवपाचो निर्णय सरकारान घेतला. पूण तेल विपणन कंपनींनी ह्या दोन पेट्रोलियम उत्पादनांच्या किरकोळ दरांत वाड जावची ना अशें स्पश्ट केलां. नवी दिल्लींत ब्रीफिंग मिडियाचेर पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्री हरदीप सिंग पुरी हांणी अबकारी करांतली वाड गिरायकां कडेन वचची ना अशें सांगलें.

अर्थ मंत्रालयान जारी केल्ले अधिसुचोवणे प्रमाण फाल्यां सावन लागू जावपी पेट्रोल आनी डिझेलाचेर अबकारी कर दोन रुपया वाडयला.

एलपीजी सिलिंडरांचे दर 50 रुपया वाडयल्यात अशेंय मंत्र्यान सांगलें. उज्ज्वला लावार्थ्यां खातीर आतां एलपीजीचें मोल 550 रुपया, आनी हेरां खातीर फाल्यां सावन 853 रुपया जातलें अशें श्री पुरी हांणी सांगलें.

सायबर गुन्यांवांचेर आळाबंदा हाडपा खातीर सरकार सायबर लॅबांचें जाळें सतत घटमूट करता अशें मुख्यमंत्री देवेंद्र फडणवीस हांणी सांगलें. मुंबयच्या डी बी मार्ग पुलीस स्टेशनांतल्या सायबर लॅबाच्या उक्तावण सुवाळ्यांत ते उलयताले. तशेंच मुख्यमंत्र्यान वर्ली आनी गोवंडी पुलीस स्टेशनांचेर सायबर लॅबांचें व्हर्च्युअल उक्तावण केलें. ते भायर मुंबय पुलीसाच्या हेर उपक्रमांचें उक्तावण तांणी केलें, तातूंत मोबायल फॉरेंसिक व्हॅन आनी प्रगत मोटारसायकल हांचो आस्पाव जाता. संवसारीक पांवड्यार उपलब्ध आशिल्ल्या सगळ्यांत प्रगत तंत्रगिन्यानाचो हे सायबर लॅब वापरतले. ह्या लॅबा वरवीं ऑनलायन अर्थीक फटवणूक आनी बँक खातें हॅकिंग अशा गुन्यांवांचेर बरे तरेन नियंत्रण मेळटलें.

अमेरिकेन हालींच चालीक लायिल्ल्या दर धोरणांक लागून संवसारीक बाजारांत बरीच भासाभास चल्ल्या. जाकालागून संवसारात विक्री वाडल्या. Nasdaq-100, S&P 500 आणि Nikkei 225 फ्युचर्स सारकील्ल्या मुखेल निर्देशांकांत व्हड घसरण जाल्या. ह्या वर्सा अमेरिकेत जवळजवळ पाच तिमाही-बिंदू व्याजदर कपातीकलागून फ्युचर्स बाजारांत किंमत वाढल्या जाकालागून ट्रेझरी उत्पन्नात खूप उणाव आयला. आकाशवाणीच्या खबराकारांनी दिल्ल्या म्हायतीप्रमाण आजच्या घसरणीफाटलें मुखेल कारण म्हणजे संवसारातल्यो दोन सगळ्यांत व्हडल्यो अर्थव्यवस्था, अमेरिका आणि चीन हांच्यामदलो वाढतो वेपार संघर्ष. अमेरिकेन टॅरिफ वाडयल्याउपरांत, चीनान खुपश्या अमेरिकन उत्पादनांचेर शुल्क लादले, जाकालागून सुरुवातीच्या काळांत चीनी शेअर बाजार १० टक्क्यांनी घसरलो. अमेरिकेची व्यापार तूट निश्चित जायमेरेन चीनावांगडा खंयचोच करार जावचो ना अशें राष्ट्राध्यक्ष ट्रम्प हांणी म्हळां.